०९.०८.२०२५ सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र,

प्रादेशिक खबरो

- भावा-भयणींच्या खाशेल्या बंधनाचो उत्सव म्हळ्यार रक्षाबंधन आयज देशभर मनयतात. ह्या निमतान भयणी आपल्या भावांच्या मनगटाक राखी बांदून तांची समृध्दी, भलायकी आनी बरेपणाची प्रार्थना करतात. आनी भाव आपल्या भयणींक सदाच आदार दिवना राखण करपाचे उतर दितात आनी तांकां भेटवस्तू भेटयतात.
- नुस्तेंमारी मंत्री निळकंठ हळर्णकर आयज नारळी पुनवेच्या म्हुर्तार सकाळी 10.00 वराचेर पणजे नुस्तेंमारी खात्यालागीच्या नुस्तेंमारी जेटीचेर दर्याची पूजा करतले.
- कुडचडे मतदारसंघातल्या ओडार आनी शेळवण वाठारात येवपी लोडींग आनी अनलोडींग जेटीक गोंय दर्यादेग वेवस्थापनपन प्राधिकारणान परवानो दिल्याखातीर सभाघरात बोवाळ जालो. आमदार निलेश काब्राल हांणी गोंय दर्यादेग वेवस्थापनपन प्राधिकारणान ह्या प्रकल्पाक परवानो दिवच्यापयली थळाव्या पंचायतींक विस्वासान घेवंक ना असो आरोप केलो. ह्या प्रकल्पाक थळाव्या पंचायतीन नागरीकांनी आनी पंचायतीनी विरोध केल्या उपरांत लेगीत परवानो कसो दिलो असो प्रस्न तांणी पर्यावरण मंत्री आलेक्स सिक्वेरा हांकां केल्लो. ज्या वाठारात हो प्रकल्प प्रस्तावित आसा तो जैवविविधतय संवेदनशील वाठार जांवन आसा, जाल्यार पर्यावरण परीणाम विश्लेशण अहवाल ज्या कंपनीनी केलो तो चुकीचो करपी कंपनीकचेंर लेगीत करवाय जावची. State Climate Action Cell ची बसका ह्या ना जाल्यार फुडल्या सप्तकात जातली. अशी म्हायती सभाघराक दिल्या. सैमाक इबाडपी, तशेच थळाव्या लोकांक जर हो प्रकल्प नाका जाल्यार संबंधित

प्रकल्पाक सरकार  मान्यताय दिवचे ना अशे मंत्री आलेक्स सिक्वेरा हांणी म्हणला.इतलेमजगती आमदार विजय सरदेसाय हांणी ह्या जेटीवेल्यान कोळश्याची येरादारी करपाची आसा अशी भिरांत थळाव्या नागरीकांनी उक्तायला अशे सभाघराच्या नदरेक हाडुन दिले. ह्यावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी  ह्या जेटीवेलयान कोळश्याची येरादारी वा स्टोरेज जावचे ना अशे आस्वासन दिला. बाय्ट

- दर्यादेग वेवस्थापन आराखडो २०११ हो निश्चित जालो आसतानाच दर्यादेग वेवस्थापन आराखडो २०१९ करपाक राज्याक मान्यताय मेळ्या, सीडोडाएमपी २०१९ जाले उपरांत दयदिगेचेर १०० मीटरामेरेनची बांदकामा नेमीत जातली, अरों मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. कायदो, पर्यावरण तशेच नोंदणी खात्याच्या मागण्याक चर्चे उपरांत सभाघरान मान्यताय दिली. चर्चेक जाप दितना मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ही म्हायती दिली. तरेकवार न्यायालयानी न्यायालयीन अधिकाऱ्याची ७४ पदां भरपाक मान्यताय मेळटली. मडगावा जिल्हो न्यायालया खातीर नवी इमारत जातली. दिवचलच्या न्यायालय इमारतीची दुरूस्ती जातली. म्हापसा नोंदणी कार्यालय दूसरीकडेन स्थलांतरीत करतले. पेडणे आनी सत्तरीच्या नोंदणी कार्यालया खातीर नव्या जाग्याची वेवस्था करतले. अशें तांणी सांगलें.
- विनियोग विधेयका सयत हेर विधेयकां संमत जाले उपरांत गोंय विधानसभेच्या पावसाळी अधिवेशनाचों शुक्रारा समारोप जालो. निमणे दिसा अर्थसंकल्पाक मान्यताय दितानाच मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी अर्थसंकल्पाच्या खर्चाक मान्यताय घेवपी गोंय विनियोग विधेयक संमत करून घेतले. अंदूचो अर्थसंकल्प हो चवथेच्या माटोळी सारको आसा आनी तो स्वयंपूर्णतेक उर्चा दिषपी आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी विनियोग विधेयकाचेर उलयताना सांगलें. अधिवेशनात ८९६ तारांकीत आनी ३३३० अतारांकीत प्रश्न मांडले. सरकारी तशेच कोमुनिदाद जमिनीवेली २०१४

पयलीची घरां/बांदकामा अधीकृत करपी स्वतंत्र विधेयकांक सभाघरान मान्यताय दिली.

- हवामान खात्यान दिल्ल्या म्हायतीप्रमाण पणजेंत उण्यात उणे तापमान २४.६ डिग्री सेल्सियस नोन्द जाला जाल्यार चडांत चड तापमान २८ डिग्री सेल्सियस नोन्द जाला. आयज गोयांत कांय वाठारानी मध्यम पावसाची शक्यताय आसा. आयज तापमन 25 ते 30 डिग्री सेल्सियस मजगती आसतले, आर्द्रता 75 ते 95 टक्के आसतली. वा-याचो नेट चड आशिल्ल्या कारणान नुस्तेमारप्यानी खोल अरबी दर्याचे वचप टाळपाची शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या.
- 19 वर्सां सकयल्या आशियाई बॉक्सिंग चॅम्पियनशिपांत आयज आपापल्या उपांत्य फेरयेंत जैत मेळोवन बँकॉकांत सात बायलां सयत 10 भारतीय मुष्टियुध्दपटू भांगरा पदका खातीर झुजतले. दादल्यांच्या सर्तींत मॉसम सुहाग (65 किलो), राहुल कुंडू (75 किलो) आनी हेमंत सांगवान (90 किलो) आनी बायलांच्या विभागांत निशा (54 किलो), मुस्कान (57 किलो), विनी (60 किलो), निशा (65 किलो), आरती कुमारी (75 किलो), परची टोकास (80 प्लस किलो) गटांत निमण्या फेरयेंत पावल्यात. कृतिका हाका ८० किग्रॅ गटांत थेट निमण्या खेळांत प्रवेश आसा.